**Panaji national news**

**13 .03.2026, 6.30 pm**

**80 प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी**

केंद्रांतलें भाजपा फुडारपणा खाला एनडीए सरकार बोडो टेरिटोरियल काउन्सिल वाठाराच्या सगळ्या वटांनी उदरगती खातीर वावुरता, आनी ताचे नेटान उदरगती खातीर 1500 कोटी रुपया मंजूर केल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गुवाहाटींत आसामाच्या कोकराझार जिल्ह्यांत जाल्ले भौशीक बसकेंत व्हर्च्युअली संबोधन करतना सांगलें. हवामानाच्या परिस्थितीक लागून प्रधानमंत्र्याची कोकराझाराची नियोजीत भेट रद्द जाल्या.दशकां सावन हिंसाचार आनी रगत व्हांवपी बोडो वाठार वाड आनी स्थिरताय हांच्या नव्या युगांत पावला अशें पीएम हांणी उजवाडायलें, हजारांनी तरणाट्यांनी मुखेल प्रवाहांत येवपा खातीर आपले हात सोंपले अशें सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आसामांतल्या कोकराझारांत व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं 4,570 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगतीच्या कामांचें उक्तावण आनी बुन्याद घाली.

**प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी**

प्रधानमंत्री मोदी हांणी इराणाच्या राष्ट्रपती कडेन उलयतना प्रादेशिक परिस्थितीचेर भासाभास केली. संवाद आनी मुत्सद्देगिरींतल्यान प्रस्न सोडोवपाची भारताची भुमिका मोदीन परतून सांगली. भारतीय नागरिकांची सुरक्षीतताय आनी उर्जा पुरवणेचो अखंड प्रवाह सुनिश्चीत करप हें भारताचें प्राधान्य आसा अशेंय तांणी स्पश्ट केलें. दोनूय फुडाऱ्यांनी सतत संपर्कांत रावपाचें मान्य केलें.

**Hardeep puri**

अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाक लागून होर्मुझ सामुद्रधुनी बंद जाल्ल्यान संवसारीक उर्जेची पुरवण खंडीत जाल्या. पूण भारताची कच्च्या तेलाची परिस्थिती सुरक्षीत आसा आनी आयात स्त्रोतांत विविधताय आयिल्ल्यान पेट्रोल आनी डिझेलाचो उणाव

दिसना. सरकारान सैमीक वायू आनी एलपीजी उत्पादनांत 28 टक्क्यांनी वाड केल्या आनी देशांतल्या पुरवणेक प्राधान्य दिलां. संवसारीक दर वाडले तरी देशांतले दर नियंत्रणांत दवरल्यात आनी गरीबांच्या रांदचे कुडीची राखण करपा खातीर सरकार कटिबद्ध आसा अशें मंत्री हांणी सांगलें.

**ओम बिर्ला**

संसदेंत अभिव्यक्ती स्वातंत्र्य नेमांक आदारीत आसा आनी खंयच्याच वांगड्याक ह्या मर्यादे भायर उलोवपाचें सौभाग्य ना अशें लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी स्पश्ट केलें. सभाघरांतले नारे आनी फलक संसदेची प्रतिश्ठा कलंकीत करतात. विरोधी पक्षांनी केल्ल्या 'म्यूट' ह्या आरोपांक खंडन करतना तांणी स्पश्ट केलें की ही कार्यवाही नेमा प्रमाण चलता. लोकशाय परंपरा तिगोवन दवरपा खातीर शिस्त सांबाळप आनी संसदेचो आदर करप ही सगळ्या वांगड्यांची सामुहीक जापसालदारकी आसा अशेंय तांणी रेखांकित केलें.

**S.jaiskhankar**

भारताच्या सुरक्षा आनी अर्थीक हिताचेर परिणाम करपी हिंदु म्हासागर प्रदेशांतल्या सगळ्या घडामोडींचेर बारीक नदर दवरता अशें सरकारान आयज सांगलें. आयज लोकसभेंत एका प्रस्नाक बरयल्ले जाप दितना परराश्ट्र मंत्री डॉ. हिंदु म्हासागराच्या वाठारा सयत देशां कडेन भारताचे संबंद स्वताच्या पांवड्यार उबे आसात आनी त्या देशांच्या तिसऱ्या देशां कडेन आशिल्ल्या संबंदा पासून स्वतंत्र आसात अशें तांणी सांगलें.

**अर्थमंत्री निर्मला**

लोकसभेन आयज अनुदानाची पूरक मागणी - दुसरो गट 2025-26 मान्य केलो. ताचे खाला सरकारान दोन लाख आनी 81 हजार कोटी रुपया परस चड एकूण अतिरिक्त खर्च मागला. अतिरिक्त निव्वळ रोख आउटगो मंजुरी मुखेलपणान सारें, अन्न अनुदान आनी संरक्षण सेवा, हेरां सयत चड खर्च पुराय करपा खातीर मागली.

आयज सकयल्या सभाघरांत जाल्ले चर्चेक जाप दितना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें, पूरक मागणींत 61 अनुदानांचो आस्पाव आसा. सरकारान एकंदर स्थूल अर्थीक चौकटी घटमूट केल्या, जाका लागून राष्ट्राक वित्तीय एकवटीत रस्तो नकाशांतल्यान पयस वचनासतना वेगवेगळ्या प्रकारचे अर्थीक धक्को आत्मसात करपाक मेळ्ळा अशें तिणें सांगलें.

60

सुदारीत राजमार्ग प्रवेश ऑनलायन पोर्टला वरवीं देशांतल्या राष्ट्रीय म्हामार्गांचेर इंधन स्टेशन, रेस्टॉरंट वा विसव घेवपाची सुवात स्थापन करपा खातीर गरजेच्यो प्रवेश परवानगी मेळोवपाची प्रक्रिया सोपी जाल्या अशें सरकारान आयज सांगलें. सुदारीत पोर्टल केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी फाटल्या म्हयन्यांत सुरू केल्लें. देशांतल्या विस्तारपी म्हामार्ग नेटवर्काक आदार दिवपी मुळावी बांदावळ विकसीत करपाक वेवसाय, संघटना आनी नागरिकांक सोंपें करपाचो हेतू आसा.